TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्याय-निर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

मुंबई उच्च न्यायालय, गोंय

***

रीट याचिका क्र. 251/2001

1. ‘डावन मांगूर व्हॅली’, रॅजिडण्ट्स वॅल्फॅर असोसिएशन,

अध्यक्ष श्री. क्रुझ डायस मार्फत प्रतिनिधित्व,

फ्लॅट नंबर. 06, आवे मारिया इमारत,

डावन मांगूर व्हॅली, मांगूर हील, वास्को- द -गामा, गोंय 403802, आनी

2. श्री. कार्मेलिनो मचाडो, जोड सचीव,

‘डावन मांगूर व्हॅली’, रॅजिडण्ट्स वॅल्फॅर असोसिएशन,

मांगूर हील, वास्को- द- गामा, गोंय. ... याचिकादार

विरुद्ध

1. मुख्य अधिकारी मार्फत,

मुरगांव नगरपालिका मंडळ,

वास्को- द - गामा, गोंय

2. श्री. ए. डब्ल्यू. आवळे, मुख्य अधिकारी,

मुरगांव नगरपालिका मंडळ,

वास्को-द-गामा, गोंय, 403802,

3 मुख्य सचीव मार्फत, गोंय राज्य,

जांचें कार्यालय सचिवालय, पणजी, गोंय हांगा आसा,

4 श्री. बाबू लक्ष्मण राव,

5 श्री. विठ्ठल आर. देशमूख,

6 श्री. हिरप्पा काहनदापनूर,

7 श्री. माकनू कट्टीमणी

8 श्री. अमूनसाब कट्टीमणी,

9 श्री. मकदूम कट्टीमणी,

10 श्रीमती. रेणुका राठोड,

11 श्रीमती. कासिमबी दस्तगीर शेख,

12 श्री. बाबू माकनदार,

13 श्रीमती. तिमार्वा पाट्रोड उर्फ श्रीमती. तिमा पाटूरटीट,

14 श्री. अब्दूल रजाक शेख,

15 श्रीमती. मुमतैना शेख उर्फ मगदुमसाब शेख,

सगळे नितीन स्टोअराच्या सामकार, डावन मांगूर हील,

वास्को-द-गामा, गोंय हांगचे रहिवासी ... प्रतिवादी

श्री. एम. एस. सोनक, याचिकादारां खातीर आदवोगाद.

श्री. एस.जी. देसाई, वरिश्ठ आदवोगाद, हांचे सयत आदवोगाद श्री. एस. डी. पडियार प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 खातीर आदवोगाद.

श्री. ए.एन. एस. नाडकर्णी, एडव्होकेट जनरल, हांचे सयत अतिरिक्त सरकारी आदवोगाद श्री. एस. वहिदुल्ला हे प्रतिवादी क्र. 3 खातीर आदवोगाद.

श्री. एस. के पै, हे एल. ए. एस. अंतर्गत प्रतिवादी क्र. 10, 11, 13 आनी 15 खातीर आदवोगाद.

कोरम: एफ. आय. रिबेलो आनी

ए. एस. आगियार, न्या.

तारीखः 8 जानेवारी, 2002.

<u>तोंडी न्यायनिवाडो</u> (रिबेलो, न्या. हांणी दिला)

ह्या न्यायालयान 12 डिसेंबर 2001 ह्या दिसा आशिल्लें प्रकरण दोगूय पक्षकारांक कळोवणी दिवन फुडें धुकल्लें आनी जे तारखेर फुडें धुकल्लां, त्या दिसा मानून घेवंक सुनावणी आनी निमाणी सुनावणी जातली अशें कळयलां. त्या न्यादेशा प्रमाणें, विलंब करिनासतना आयकून घेतली.

2. याचिकादार, मेसर्स. डावन मांगूर व्हॅली रॅजिडण्ट्स वॅल्फॅर असोसिएशन, सोसायटी नोंदणीकरण अधिनेमा खाला नोंदणीकृत आसा. सर्वेक्षण नंबर. 59, पी. टी. शीट क्र. 150, मांगूर हील, वास्को-द-गामा, खाला सर्वेक्षण केल्ल्या 'बाबकियाद' हे मालमत्तेंत उकती सुवात म्हणून निश्चीत केल्ले प्लॉट 'सी' हातूंत भुरग्यांचें उद्यान (चिल्ड्रन पार्क) /गार्डन करप, ही ताची मोख आनी उद्दिश्ट आशिल्लें. याचिकादार क्र. 2 हो याचिकादार क्र. 1 चो जोड सचीव आसा. सध्याची याचिका

दाखल करूंक याचिकादार क्र. 1 च्या थारावा वरवीं अध्यक्ष आनी जोड सचीव हांकां अधिकृत केला.

ही याचिकी निकालांत काडपाच्या उद्देशा खातीर कांय प्रसंगोचीत वस्तुस्थिती हांगा दिता. सर्गेस्त ब्रुनो लिझार्डो फर्नांडीस हे मालमत्तेचे मालक आशिल्ले, जी सध्याचे याचिकेची विशयवस्तू आसा. उल्लेखीत मालमत्तेच्या विकासाचे परवानगी खातीर उल्लेखीत मालकान प्रतिवादी क्र. 1 हाका अर्ज केल्लो. 30 डिसेंबर 1966 तारखेच्या पत्रा वरवीं प्रतिवादी क्र. 1 च्या अध्यक्षान मालका कडेन पत्र वेव्हार केलो आनी, नगर नियोजन समितीचो निर्णय कळयलो, जो सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसाः-

> "नगर नियोजन समितीक, खूण केल्ले प्लॉट ए, बी, डी. 12 सयत उकती सुवात म्हणून दवरिल्लो प्लॉट 'सी' विकपाक कसलीच हरकत ना, पूण आदींच विकिल्ल्या सुवातांक हे वरवीं मान्यताय मेळची ना.
>
> निळ्या रंगान दाखयल्ल्या प्रमाणें, रस्त्याचो पॅटर्न प्लॉटांचेर परिणाम करतलो".

फुडलो दस्तावेज म्हणजे तारीख 9 ऑक्टोबर 1967 दिसाचो डीड ऑफ एक्स्चेन्ज हो मालक आनी दुसरो अंमलांत हाडपी पक्षकार हांचे मजगतीं जाल्लो, तातूंतलो एक दाऊद अबुबकर, जाचे वरवीं मालकाचे मालकीचे जमनीचो एक भाग एक्स्चेन्ज केलो. पूण, एक्स्चेन्ज केल्ले जमनी संदर्भांत प्रसंगोचीत गजाल म्हणल्यार पश्चिमे कडेन प्लॉट 'सी' ही उकती सुवात म्हणून पयलींच थारावन दवरिल्ली. ताचे उपरांत तारीख 11 जानेवारी 1979 दिसा मुख्य नगर नियोजकान पयल्या प्रतिवादीच्या पूर्वहक्काधिकाऱ्याक पत्र बरयल्लें, जातूंत मुख्य नगर नियोजकान कळयल्लें की, मूळ मालक ब्रुनो फर्नांडीस हांणी मांगूर हिलार राखून दवरिल्ले उकते सुवातेचें रुपांतर गार्डन/उद्यानांत करपा संदर्भांत, मांगूर हील, वास्को-द-गामा हांगच्या मारिया व्हर्जिनिया दा सिल्वा फर्नांडीस हांचे कडल्यान पत्र प्राप्त जालां. मुख्य नगर नियोजकान अध्यक्षाक, तांच्या कार्यालयाक कळोवन ह्या

प्रकरणांत आवश्यक कारवाय करपाची विनवणी केली. तारीख 21 जून 1980 दिसाचें पत्र मुख्य नगर नियोजकान, मुरगांव नियोजन आनी विकास अधिकारिणीच्या वांगडी सचिवाक बरयलें. भूंय सर्वेक्षण करपी तपासनीसांचें लक्ष वेदिल्लो एक विशय म्हणल्यार सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हांचो मान्य केल्लो उप-विभागीत प्लान, जातूंतलो मांगूर हिलार बाबकियाद हांगचो एक प्लॉट उकती सुवात म्हणून राखून दवरिल्लो, जातूंत आतां बेकायदेशीर खोंपी बांदल्यात अशें म्हणलां. 4 जुलय 2001 दिसा, प्रतिवादी क्र. 1 हांणी भौशीक कळोवणी जारी केल्ली आनी प्रतिवादी क्र. 2 चे सयेंतले भौशीक कळोवणी वरवीं अशें कळयल्लें की, कळोवणेक जोडिल्ले अनुसुचींत वर्णन केल्ले मालमत्तेचो ताबो घेवन डावन मांगूर व्हॅलींतल्या रहिवाशींच्या लाभा खातीर गार्डन/उद्यान म्हणून विकसीत करपाचो प्रस्ताव प्रतिवादी क्र. 1हाचो आसा. म्हत्वाचें म्हणल्यार, कळोवणेंत दिल्लें की, 30 मार्च 1978 दिसा, आदलो जमीन मालक ब्रुनो एल. फर्नांडीस हांणी नगरपालिका मंडळाच्या आदल्या अध्यक्षांक बरयल्ल्या उपचारीक पत्रा वरवीं उल्लेखीत मालमत्ता नगरपालिकेचे सुवादीन केल्ली. प्लॉट रिकामो करून जे मूळ गजाली खातीर तो नेमून दवरिल्लो ती म्हणल्यार गार्डन/उद्यान बांदचें हे खातीर प्लॉटांच्या मालकांनी / अधिभोगींनी वैयक्तीक रितीन बरयलां अशें याचिकेक परिशिश्ट म्हणून जोडिल्ल्या श्रीमती व्हर्जिनिया दा सिल्वा हांच्या प्रतिज्ञापत्रांतल्यान समजता. याचिकेच्या परिच्छेद 4त ते संदर्भांत दृढकथनां आसात जे प्रतिवादी क्र. 1 हांणी दाखल केल्ले प्रतिज्ञापत्र-जापेंत न्हयकारूंक ना. नगरपालिका अधिकारिणीचेर दबाव हाडून राजकारण्यां वरवीं बेकायदेशीर झोंपड्यांक संरक्षण दितात अशीय तक्रार याचिकादारांची आसा. गोंय नगरपालिका अधिनेम, 1968 च्या कलम 184 खाला (हाचे फुडें 'नगरपालिका अधिनेम" म्हणून संदर्भीत केलां) पयल्या प्रतिवादीच्या मुख्य अधिकाऱ्यान जारी केल्ली 29 ऑगस्ट 1980 दिसाची कळोवणी ही लेगीत नोंदीचेर आसा. प्रतिवादी क्र.1 कडल्यान योग्य परवानो घेनासतना बेकायदेशीर बांदकामां केल्लीं आनी कळोवणी दिल्ले तारखे सावन पंदरा दिसां भितर बिल्डींग बांदकामां तत्काळ बंद करप आनी पुराय जाल्लें बांदकाम उध्वस्त करप / मोडून उडोवप अशें उल्लेखीत कळोवणेंत नदरेक हाडून दिला. कळोवणी प्राप्त करतल्यान कळोवणीचे अटीं प्रमाणें मागणीचें अनुपालन केलें ना जाल्यार,

आपल्याक दिल्ल्या अधिकारां प्रमाणें मुख्य अधिकारी कारवाय करतलो असोय उल्लेख तातूंत आसा.

3. 30 मार्च 2001 ह्या दिसा, डावन मांगूर व्हॅलींतल्या रहिवाशांनी याचिकादार क्र. 1 चे नदरे मुखार व्हडा प्रमाणांत बेकायदेशीर बांदकामां जायत आसात आनी ताचेर किदें कारवाय केल्या ती जाणून घेवपाची आसा अशें परत मुख्य अधिकाऱ्याक कळयलें. फोटवां सयत बेकायदेशीर बांदकामांच्यो प्रती धाडिल्ल्यो. हें पत्र दुसऱ्या प्रतिवादीच्या कार्यालयांत 9 एप्रील 2001 दिसा प्राप्त जालें. दुसऱ्या प्रतिवादीन 18 एप्रील 2001 दिसा, उकती सुवात म्हणून राखून दवरिल्ले सुवातेंतल्या बांदकामांच्या अधिभोगींक कळोवण्यो जारी केल्ल्यो. नगरपालिका अधिनेमा खाला आवश्यक आशिल्ली पूर्वपरवानगी घेनासतना अधिभोगींनी बेकायदेशीर बांदकाम केलां हें 12 एप्रील 2001 दिसा केल्ले तपासणींत सांगलां. नगरपालिका अधिनेमाच्या कलम 184 चें उल्लंघन करपी हें बांदकाम बेकायदेशीर आसा अशेंय फुडें नमूद केलां. अधिनेमाच्या कलम 184 (1) (ए) खाला, उल्लेखीत बांदकाम मोडपा खातीर आदेश किद्याक दिवचो न्हय, हाचीं कारणां दाखोवपा खातीर कळोवणी प्राप्त जातल्यांक आपयल्ले. कळोवणी प्राप्त करतल्यांनी, 19 एप्रील 2001 दिसाचे जापे वरवीं हीं कारणां दाखयलीं अशें दिसता. ताचे उपरांत तांणी सांगलें, घरां/खोंपी फाटल्या 40 वर्सां परस चड काळा सावन अस्तित्वांत आसात आनी पालकांच्या मरणा उपरांत तांकां वारसांनी मेळ्ळ्यांत; आनी कळोवणी प्राप्त करप्यांचो जल्म त्याच निवासांत जाल्लो. ताच्या समर्थनार्थ तांणी वेंचणूक मतदार वळेरी, राशनकार्ड आनी टपाल पत्रांय सादर केल्लीं. बांदकामां पोरणीं आसलीं आनी हालीं तातूंत नवीन बदल करूंक नाशिल्ले आनी वयल्यो गजाली लक्षांत घेवन, बांदकामां मोडपाच्यो कळोवण्यो फाटी घेवपाची/रद्द करपाची आनी निवासस्थानां नियमीत करपाची विनवणी नगरपालिकेक केल्ली, असो उल्लेख केल्लो. 4 जून 2001 दिसा, दुसऱ्या प्रतिवादीन नगरपालिका प्रशासन संचालकांक पत्र बरयलें. डावन मांगूर व्हॅलींतल्या लोकां कडल्यान बेकायदेशीर बांदकामाच्या संदर्भांत, जमीन मालकान गार्डन/ उद्यानाच्या उद्देशान उकती सुवात म्हणून दवरिल्ले सुवाते वयलें बेकायदेशीर बांदकाम मोडून उडोवपाचे विनवणी सयत तक्रार प्राप्त जाल्ली, हें

उल्लेखीत पत्रांत नमूद केल्लें. खबरापत्रांतल्यान एक बातमीय प्रकाशीत जाल्ली. त्या संदर्भात, दुसऱ्या प्रतिवादीन सांगलें, ताणें संबंदीत व्यक्तींक कळोवण्यो जारी केल्ल्यो. सुमार णव कुटुंबांनी ते जमनीर बेकायदेशीर रितीन घरां बांदलीं आनी तीन व्यक्तींनी फटीचे दस्तावेज सादर करून नगरपालिके कडल्यान घर कराच्यो पावत्यो मेळयल्ल्यो, असो नगरपालिकेच्या कनिश्ठ अभियंत्यान सादर केल्ल्या अहवालांचो संदर्भ दिला. प्रकरणाचो तपास सुरू आसलो आनी ते मजगतीं फुडलो वाद टाळपा खातीर वयर उल्लेखीत तिगूय व्यक्तींचो घर कर रद्द केलो, अशेंय त्या पत्रांत नमूद केलां. पी. टी. शीट क्र. 150 च्या चलता क्र. 59 च्या, गार्डन/उद्याना खातीर आरक्षीत आशिल्ले उकते सुवातेंत बेकायदेशीर घरां बांदपी णव जाणांक निमाणी कळोवणी जारी करूंक तक्रारदार व्हड दबाव हाडटाले अशेंय नमूद केल्लें. त्या पत्रांतलो सकयल दिल्लो उतारो अदीक म्हत्वाचो आसा:

> "नगरपालिका अधिनेम, 1968 च्या कलम 184 (8) खाला एकदा निमाण्यो कळोवण्यो जारी करतकच, 14 दीस जाले उपरांत उल्लेखीत बेकायदेशीर बांदकामांचेर आवश्यक कारवाय करूंक हांव बांदील आसां."

ताचे उपरांत तांणी सांगलें, अश्यो व्यक्ती दीर्घकाळा खातीर अशे जमनीर रावल्यो जाल्यार त्या व्यक्तींक ते जमनींतल्यान बेदखल करचे आदीं ताची पुनर्वसणूक करपाचो धोरणात्मक निर्णय सरकारान घेतला. 11 कुटुंबांनी दावो केल्लो आपूण वयर उल्लेखीत जमनींत फाटल्या 30 ते 40 वर्सां सावन रावतात आनी त्या भागांतल्या सुमार वीस व्यक्तींच्या शिश्टमंडळान तांच्या प्रतिकथनाक फाटबळ दिल्लें असो सध्याचे केशींत प्रतिवाद केल्लो. ताचे उपरांत तांणी सांगलें, तांचें प्रतिकथन सिद्ध करूंक कसलेच समर्थनात्मक दस्तावेज सादर करूंक नात; दुसऱ्या प्रतिवादीन बेकायदेशीर बांदकामांची स्वता तपासणी केल्ली आनी उल्लेखीत उकते सुवाते वयलीं तीं बांदकामां 20 वर्सां परस चड पोरणीं आसात, हाची खात्री केल्ली. हें प्रकरण विचारांत घेवंक सरकारा मुखार दवरचें आनी उल्लेख केल्ल्या ह्या वाठाराच्या लागसारचे सरकारी वा कोमुनिदाद जमनीचेर त्या 11 कुटुंबांची पुनर्वसणूक करपाचो सरकाराचो विचार आसा काय किदें आनी तशें आसल्यार, सरकाराचो निर्णय मंडळाक कळोवचो अशी विनवणी केल्ली. त्या पत्राक जाप दितना, बेकायदेशीर

बांदकामांचीं प्रकरणां हाताळपा संदर्भांत नगरपालिका अधिनेमांत थारावीक तरतुदी आसात अशें नगरपालिका प्रशासनाच्या अतिरिक्त संचालकान दुसऱ्या प्रतिवादीक बरयलें. अधिनेमांतल्या तरतुदीं प्रमाणें दुसऱ्या प्रतिवादीक बेकायदेशीर बांदकामांचेर योग्य ती कारवाय करपाचे निर्देश दिल्ले. 20 जुलय 2001 दिसाचे निमाणे कळोवणी वेळार कळोवणी प्राप्त करतल्यान केल्ल्या निवेदनाचो विचार केल्या उपरांत, सकयल दिल्ल्या गजालींक लागून दुसऱ्या प्रतिवादीन दाखयल्लें कारण असमाधानकारक आसाः-

(अ) उल्लेखीत बांदकाम / खोंपी खातीर कसलीच परवानगी/परवानो सादर करूंक नासलो; आनी

(ब) मालकीच्या समर्थनार्थ दस्तावेज सादर करूंक नासलो.

हे परिस्थितींत, नगरपालिका अधिनेमाच्या कलम 184 (8) खाला ताका प्राप्त जाल्ल्या अधिकारांचो वापर करून दुसऱ्या प्रतिवादीन, कळोवणी प्राप्त करतल्यांक कळोवणी दिल्ले दिसा सावन पंदरा दिसांच्या भितर बांदकाम/झोंपड्यांचीं बेकायदेशीर बांदकामां मोडपाक सांगलीं आनी जरी दिल्ल्या वेळांत बांदकामां मोडूंक सुरवात करूंक ना जाल्यार, दुसरो प्रतिवादी बेकायदेशीर बांदकामां मोडपाचो आदेश दितलो. हे कळोवणी उपरांत, वास्को-द-गामाचो उप-जिल्लोधिकारी, हांणी तारीख 13 ऑगस्ट 2001 दिसाच्या पत्रा वरवीं दुसऱ्या प्रतिवादीक कळयलें, सरकारा कडेन पुनर्वसणुकेची कसलीच येवजण ना; सरकारी/ कोमुनिदादीचे जमनी वयल्या बेकायदेशीर बांदकामांच्या नियमितीकरणा बाबतींत, तांकां ते तारखे मेरेन कसल्योच सुचोवण्यो नासल्यो. मुंडकार केशी दाखल केल्यात आनी म्हणून मुरगांवच्या मामलतदाराचो ह्या प्रकरणांचेर निर्णय जाय मेरेन कसलीच कारवाय करची न्हय अशें 31 जुलय 2001 दिसा दुसऱ्या प्रतिवादीक निवेदन दिल्लें. 2 ऑगस्ट 2001 दिसा, तारीख 20 जुलय 2001 चे निमाणे कळोवणीच्या संदर्भांत, ह्या प्रकरणांचेर कसलीच कारवाय करची न्हय अशें आनीक एक निवेदन दिल्लें आनी मुंडकार अर्जा संबंदीत आनिकूय अर्ज दाखल केल्ले.

ते मजगतीं, 31 मे 2001 दिसाच्या आदेशा प्रमाणें, जांणी घर क्रमांक प्राप्त केल्ले ताच्या संदर्भांत, दुसऱ्या प्रतिवादीन घर क्रमांक मेळोवंक सादर केल्ले फटीचे माहिती आनी दस्तावेजा संबंदान, ते घर क्रमांक रद्द केले आनी नगरपालिकेचे तिजोरींत भरिल्ली रक्कम जप्त केली. ह्या पांवड्यार नोंद घेवप योग्य थारतले की उकते सुवातेर बांदकाम केल्ल्या अधिवाशांक घर नोंदणी क्रमांक मेळोवपा खातीर, पयल्या प्रतिवादीच्या कार्यालयांत प्रतिज्ञापत्र सादर केल्लें. उल्लेखीत प्रतिज्ञापत्रांत सकयल दिल्ले प्रमाणें सांगिल्लें:

"सगळ्या वेव्हारीक उद्देशां खातीर बेकायदेशीर बांदकामां बेकायदेशीर उरतलीं आनी बांदकामांय बेकायदेशीरच उरतलीं."

4. 6 ऑगस्ट 2001 दिसा, उल्लेखीत कळोवणेंत नमूद केल्ल्या व्यक्तींक जारी केल्ली निमाणी कळोवणी दुसऱ्या प्रतिवादीन फाटीं घेतली. निमाणी कळोवणी फाटीं घेवपाक दिल्लीं कारणां सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:-

(i) उल्लेखीत व्यक्तीचीं कुटुंबां शांततायेन आनी लागींच्या रहिवाशांक कसलोच त्रास दिनासतना फाटल्या वीस वर्सां परस चड काळा सावन त्या वाठारांत रावतात;

(ii) मूळ जमीन मालक सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हांणी स्वता आदेशाचे तारखे मेरेन रहिवाशांक बेदखल करूंक नगरपालिका मंडळा कडेन कसलीच तक्रार दाखल करूंक ना आनी इतल्या काळा सावन ह्यो व्यक्ती हांगा रावतात आसुनूय तांचे पुनर्वसणुकेचो प्रस्न विचारांत घेनासतना त्रयस्थ पक्षा कडल्यान सध्याची कागाळ नोंद जाल्या;

(iii) वयर उल्लेखीत व्यक्ती त्याच वाठारांत जल्मल्यात आनी वाडल्यात आनी फाटल्या 20 वर्सां परस चड काळा सावन रावतात. ते प्रमाणें तांच्या दाव्याच्या समर्थनार्थ दस्तावेजांच्यो सत्यप्रती सादर केल्ल्यो;

(iv) मुरगांवच्या मामलतदारा कडल्यान तांणी कायम स्वरुपी राशन कार्डां मेळयल्यांत आनी तांचीं नांवां त्या क्षेत्रांतले मतदार वळेरेंत आसात;

(v) त्या वाठाराच्या लागसार रावपी हेर 20 रहिवाशांच्या आनीक एका गटान दुसऱ्या प्रतिवादीक अर्ज केल्लो की निवासी फाटल्या 40 वर्सां ते सुवातेर रावतात आनी तांणी शेजारच्या लोकांक कसलोच त्रास दिवंक ना आनी पुनर्वसणुकेची पर्यायी वेवस्था जाय मेरेन तांकां थंय रावपाक परवानगी दिवची अशी विनवणी तांणी केल्ली;

(vi) तक्रारदाराच्या पक्षांतल्या अर्जदारा पैकीं एका अर्जदारान 1998 वर्सा नगरपालिकेक आनी सरकाराक विनंती केल्ली की, ती सुवात मेकळी करूंक त्या कुटुंबाची हेर सुवातेर पुनर्वसणूक करची आनी सरकारान अशें आश्वासन दिल्लें की, जेन्ना मुरगांव म्हालांत सर्वसामान्य पुनर्वसणूक कार्यावळ राबयतले, तेन्ना तांचे विनंतीचेर विचार करतले;

(vii) सरकारी आनी कोमुनिदादीच्या जमनींचेर अश्या व्यक्तींनी बांदिल्लीं बेकायदेशीर घरां नियमीत करपा खातीर आनी तांची पुनर्वसणूक जाय मेरेन अशा कुटुंबांचीं घरां मोडचीं न्हय हाचे खातीर सरकारान हालींच एक धोरणात्मक निर्णय घेतला;

(viii) हीं कुटुंबां 20 वर्सां परस चड काळा सावन हांगासर रावतात आनी तांचीं घरां मोडचे पयलीं मनीसपणाच्या आदाराचेर सरकाराचे मंजुरीन एकतर सरकारी जमनीचेर वा कामुनिदादीचे मालकीचे जमनीचेर तांची पुनर्वसणूक जावची अशी तांची इत्सा आसा;

(ix) पयल्या प्रतिवादीन वयर उल्लेखीत व्यक्तींची वैयक्तीक सुनावणी घेतिल्ली तेन्ना ते जमीन मालकाचे परवानगीन फाटलीं 40 वर्सां ते सुवातेर रावतात असो दावो केल्लो; आनी

(x) त्या व्यक्तींनी 31 जुलय 2001 दिसा, वास्को- द -गामा मुरगांवच्या मामलतदारां कडेन केशी दाखल केल्ल्यान हें प्रकरण न्यायाधीन आसा.

ताचे उपरांत रोखडेंच पयल्या प्रतिवादीच्या भलायकी अधिकाऱ्यान 11 सप्टेंबर 2001 दिसा प्राप्त जाल्ले कागाळीचे आदाराचेर, पयल्या प्रतिवादीच्या अध्यक्षाक एक पत्र बरयलें. तातूंत ताणें

नितळसाण निरिक्षकान सादर केल्ल्या अहवालाचो उल्लेख केला, जातूंत अशें बरयल्लें की, थंय अशीं बांदकामां आसात जीं नितळसाण सुविधांचो विचार करिनासतना बांदल्यांत. शौचालयाची वेवस्था नाशिल्ल्यान थंयचे रहिवासी तक्रारदाराचे मालकीच्या घराच्या फाटले उकते सुवातेंत हागतात आनी मुततात, जाका लागून स्वास्थ्याचो प्रस्न उप्रासता. ह्या भागांतल्या भौशीक नळाच्या उदका खातीर गटाराची वेवस्था नाशिल्ल्यान थंय उदक सांठून उरता आनी जळारांची पैदास जाता. ताका लागून ह्या प्रकरणांत बेगिनात बेगीन कारवाय करची अशी विनंती केल्ली.

5. पयल्या प्रतिवादीन सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हाका थंयचो प्लॉट उकती सुवात म्हणून दवरचो ही अट घालून ती जमीन विकसीत करपाची परवानगी दिल्ली अशी केस याचिकादारांची आसा. सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हांणी ही अट मान्य केल्ली, आनी प्लॉट 'सी' उकती सुवात म्हणून सोडलो. जरी पयले कळोवणींत पयलो प्रतिवादी उकते सुवातेचेर ताबो मेळोवपाचो प्रस्ताव दवरता अशें दिसून येता आसलें तरी, भौशीक कळोवणी सयत दुसऱ्या प्रतिवादीन केल्ल्या सगळ्या पत्रवेव्हारांत हेंच दिसून आयलां की, उल्लेखीत उकती सुवात 30 मार्च 1978 दिसा पयल्या प्रतिवादीचे सुवादीन केल्ली. एकदा एक वाठार उकती सुवात म्हणून दवरतकच, विकसीत करपाची परवानगी दिल्ले सुवातेंतलो भुखंड खरेदी केल्ल्या रहिवाशां खातीर ती एक सुविधा थारता आनी ते सुवातेर कसलेंच बांदकाम करूंक परवानगी मेळना. तशेंच, प्लॉट 'सी' उकती सुवात म्हणून दवरिल्ली हाचे वयल्यानूच अशें दिसून येता की, त्या वेळार ते सुवातेर कसलेंच बांदकाम जावंक नासलें, तशें आशिल्लें जाल्यार ती उकती सुवात उरची नासली, वा ती सुवात विकसीत करूंक परवानगी दिवचे पयलीं सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हाका तीं बांदकामां मोडपाचो निर्देशूय दिवंक नासलो, हें नमूद केल्लें. ताका लागून, अशे परिस्थितींत ही सुवात उकती दवरूंक जाय आनी पयलो आनी दुसरो प्रतिवादी हांचेर घातिल्ल्या सक्तीच्या कर्तव्याक धरून ती सुवात तांणी उकतीच दवरूंक जाय, अशेंय नदरेक हाडून दिलां.

6. एकदा निमाणी कळोवणी जारी जातकच अपील केल्यार लेगीत, नगरपालिका अधिनेमाच्या 184 (13) कलमाच्या तरतुदींक धरून निमाणी कळोवणी म्हणून दिल्ल्या उल्लेखीत

आदेशाचो फेरनियाळ करपाचो अधिकार दुसऱ्या प्रतिवादीक ना अशें तांचें म्हणणें आसा. म्हणल्यार, व्यथीत व्यक्तींची सुनावणी घेतल्या उपरांत दुसऱ्या प्रतिवादीन दिल्लो आदेश हो न्यायीक-सो आदेश थारता आनी न्यायीक-सो आदेश दितकच, निर्णयाचो फेरनियाळ करपा विशीं नगरपालिका अधिनेमा खाला कसलोच अधिकार नाशिल्ल्यान, दुसरो प्रतिवादी 6 ऑगस्ट 2001 तारखेचो आदेश काडून निमाणी कळोवणी फाटीं घेवंक शकना, हें नदरे मुखार हाडपाचो यत्न जाला.

7. कळोवणी फाटीं घेवपा खातीर दिल्लीं कारणां नगरपालिका अधिनेमाच्या तरतुदीं भायलीं आसात अशेंय तांचें म्हणणें आसा. दुसऱ्या प्रतिवादीक ह्या अधिनेमा खाला निश्चीत अशे संविधीक अधिकार दिल्यात. ह्या संविधीक अधिकारांचो वापर करून, लागू जाता जाल्यार, नगरपालिका अधिनेम, नेम आनी पोट-नेम आनी हेर संबंदीत संविधीच्या तरतुदींचें परिक्षण करूं येता. आदेश फाटीं घेवंक वा आदेशाचो फेरनियाळ करूंक विचारांत घेतिल्ल्यो वेग-वेगळ्यो गजाली ह्यो अधिनेमा भायल्यो आसात आनी त्यो दुसऱ्या प्रतिवादीन अधिकार निभोवपाक जोडिल्ल्यो नात आनी ते खातिरूच हो आदेश रद्दबातील आनी कुशीक दवरपा योग्य आसा.

8. दुसरे वटेन, प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 हांचे वतीन दुसऱ्या प्रतिवादीचे मुख्य अधिकारी म्हणून श्री. ए. एस. आवळे हांणी 6 जानेवारी 2002 तारखेर जाप दाखल केल्या. ही याचिका लोककल्याणार्थ (pro-bono) ना आनी याचिकादार हे याचिकेचो पाठपुरावो प्रामाणीकपणान (bona fied) करिनात असो पयलो प्रतिविरोध आसा. हे सुवातेर बांदकामां फाटल्या 20 वर्सां सावन आसात आनी ताची माहिती याचिकादारांक आसा. हीं बांदकामां आशिल्ली जमीन नगरपालिकेचे मालकीची ना आनी ती खासगी मालकी हक्काची आसा आनी हे जमनीचो ताबो उपचारीक रितीन नगरपालिकेक दिवंक ना. ही जमीन गार्डन/उद्याना खातीर उकती सुवात म्हणून निश्चीत केल्ली आनी नगरपालिका मंडळाक तिचो ताबो दिल्लो, ह्या याचिकादाराच्या दाव्याक धरून, आवश्यक नोंदी सोदिल्ल्यो पूण, 'बाबकियाद' नांवाचे जमनीचो ताबो नगरपालिके कडेन कायदेशीर रितीन दिल्ल्याची नोंदी नगरपालिकेच्या नोंदींनी मेळना अशें मुखार सांगलां. नगरपालिकेन जमनीचो ताबो घेवंक कळोवणी धाडले उपरांत, नगरपालिकेचे सुवातेचेर केल्ल्या ताब्याच्या दाव्याक विरोध

करपी आनी ही जमीन उकती सुवात आशिल्ल्यान ती मुरगांव नगरपालिकेची जाता ह्या आदाराचेर दाखल केल्ले याचिकेक कसलोच आदार आनी बुनयाद ना अशें सांगपी कायदेशीर कळोवणी सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हांच्या वारसदारांच्या वकिला कडल्यान प्राप्त जाली. ताका लागून, आदेशांत जें किदें म्हणलां ताचो पुनरुच्चार जावपी अशी निमाणी कळोवणी जारी जातकच, अशें किदें घडलें जाका लागून निमाणी कळोवणी फाटीं घेतली, अशें नमूद केलें. कोमुनिदाद जमनीचेर केल्लीं बेकायदेशीर बांदकामां नियमीत करूंक तशेंच त्या लोकांची पुनर्वसणूक करूंक सरकारान धोरणात्मक निर्णय घेतला, ताका लागून बांदकामांनी रावपी लोकांचीं घरां मोडचे पयलीं, मनीसपणाचे नदरेंतल्यान, सरकाराचे मंजुरीन सरकारी/कोमुनिदाद/नगरपालिकेचे मालकीच्या जमनींचेर पुनर्वसणूक करूं येता अशें ताका दिसलें, अशें दुसऱ्या प्रतिवादीन सांगलें. ते जमनीचो ताबो वा मालकी हक्क प्रतिवादी क्र. 1 कडेन नाशिल्ल्यान, याचिका दाखल योग्य ना आनी तशेंच, थंयचे अधिभोगी फाटल्या 20 वर्सां सावन थंय रावतात, अशे प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 हांचे वतीन बाजु मांडटाना नमूद केलें. हेर प्रतिवादींचे वतीन कसलींच प्रतिज्ञापत्रां दाखल केल्लीं नात.

9. वयले फाटभुंयेर, दुसऱ्या प्रतिवादीक, नगरपालिका अधिनेमाच्या कलम 184 (8) खाला निमाणो आदेश फाटीं घेवपाचो अधिकार आसा काय किदें असो पयलो प्रस्न विचारांत घेवंक जाय. जरी न्यायीक-शें अधिकारिणीक दिल्ल्या आदेशाचो फेरनियाळ करूंक जाय जाल्यार, आदेशाचो फेरनियाळ वा आदेश फाटीं घेवपाचो अधिकार ताका विशेश रुपान दिवंक जाय, हें आतां कायद्यांत सर्वमान्य जालां. जरी अधिकारिणीक हाच्या समर्थनार्थ दाखलो जाय जाल्यार, **डॉ. (श्रीमती) कुंतेश गुप्ता विरुद्ध हिंदू कन्या म्हाविद्यालयाचे वेवस्थापन, सीतापूर, (उ.प्र.) आनी हेर,** (1987) 4 SCC 525, हे केशींत सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायनिवाड्याचो लाभदायक संदर्भ घेवं येता. न्यायीक-शी अधिकारिणी ज्या अधिकारक्षेत्रा खाला येता ताच्या संविधी वरवीं स्पश्ट रुपान फेरनियाळाचो अधिकार दिवंक ना जाल्यार, ती स्वताच्या आदेशाचो फेरनियाळ करूंक शकना, अशें आतां सुस्थापीत जालां अशें सर्वोच्च न्यायालयान अभिनिर्धारीत केलां. नगरपालिका अधिनेमाच्या 184 कलमा खाला, आवश्यक आशिल्ल्या सगळ्या कार्यपद्धतीचें अनुपालन केल्या शिवाय, खंयचीच

व्यक्ती एकाद्रे इमारतीचें बांदकाम करूंक शकना. अश्या आवश्यक गजालींचें अनुपालन करूंक पक्षकार अपेशी थारल्यार, नगरपालिका अधिनेमाच्या 184 कलमाच्या (4) उपकलमा खाला मुख्य अधिकाऱ्याक ते संबंदी अधिकार दिल्यात. तेच प्रमाणें, कळोवणी दिवंक वा हेर आवश्यक गजालींचें अनुपालन करूंक अपेस आयल्यार, बांदकाम बंद करपाचो वा तसो निर्देश दिवपाचो आनी कळोवणेंत निर्दिश्टीत केल्लें बांदकाम बदलपाचो वा मोडपाचो अधिकार 184 कलमाच्या (8) उपकलमा खाला मुख्य अधिकाऱ्याक दिला. 184 कलमाच्या (8) उपकलमा खाला दिल्ल्या आदेशा आड अपिलाचो अधिकार (13) उपकलमा खाला अपिलीय न्यायाधिकरणा कडेन आसा. ताका लागून, आदेश दिवचे पयलीं पक्षकाराची बाजू आयकूंक ताका एक संद दिवंक जाय आनी ताची बाजू आयकून घेतले उपरांत आदेश दिवंक जाय, हें स्पश्ट जाता. ते खातीर, दुसऱ्या प्रतिवादीन कागाळीची दखल घेवन निमाणी कळोवणी/आदेश हो स्वरुपान न्यायीक-सो आसा वा ते संबंदीच्या गजालींचो आसपाव आसा अशें मानूंक कांयच हरकत ना. अशी स्थिती आशिल्ल्यान, नगरपालिका अधिनेमा खाला फेरनियाळाचो अधिकार नाशिल्ल्यान, 6 ऑगस्ट 2001 हे तारखेचो आदेश दितना दुसरो प्रतिवादी अधिकारक्षेत्रा भायर वावुरला. ताका लागून, 6 ऑगस्ट 2001 तारखेचो आदेश अधिकारक्षेत्रा भायलो आशिल्ल्यान, तो रद्दबातील करून कुशीक दवरचो पडटलो.

10. विकास परियोजनेचो भाग म्हणून राखून दवरिल्ल्या उकत्या सुवातांच्या मुखेल मुद्याचेर आतां आमी वळया . प्रतिवादी क्र. 4 ते 15 हे जमनी वयलीं बांदकामां अधिभोगतात हें दाखोवपी कांय प्रमाणांतले सामुग्रीची नोंदी जाल्या हें खरें आसा. हीं बेकायदेशीर बांदकामां खूब काळा सावन अस्तित्वांत आशिल्ल्यान, ह्या प्रकरणांत आपल्या असादारण अधिकारक्षेत्राचो वापर करूंक ह्या न्यायालयाक आडकाटी आसा काय किदें असो प्रस्न आसा. गोवा, दमण आनी दिव शार आनी नगर नियोजन अधिनेम, 1974 हें अधिनेमीकरण जमनीचो विकास करपा संदर्भांत आसा. उल्लेखीत अधिनेमा खाला नियमन रचल्यात, जाच्या खाला विकासाच्या प्रकरणांत उप-विभागीत प्लॉटांच्या मालकाचेर/मालकांचेर सक्तीचें कर्तव्य घातिल्लें आसा आनी जरी थळावे अधिकारिणीक हस्तांतरीत केल्यार, थळावे अधिकारिणीन उकत्यो सुवातो दवरूंक जाय. तेच भशेन, बिल्डींग

बांदकामां प्रकरणांत पोट-नेम आसात, जाचे अंतर्गत बिल्डींग बांदकामां करतना उण्यांत उणो उकतो वाठार (set back) दवरूंक जाय आनी उकती सुवात म्हणून वाठार दवरूंक जाय, जाचेर कांयच बांदूंक जायना. वाठारांतलें पर्यावरण आनी जीवसृश्ट सांबाळूंक उण्यांत उणो उकतो वाठार/उकत्यो सुवातो दवरपाचे गरजेक राज्यान मान्यताय दिल्या आनी त्या वाठारांतल्या लोकां खातीर मनरिजवण आनी सुशेग घेवंक सुवात दवरपाची खात्री करूंक, तेच भशेन वाठारा खातीर हरीत 'फुफुसां' (हरीत पट्टो) थारपी वाठार जाय, हें आतां न्यायीक नदरेन मान्य जालां. ते खातीर, जरी रहिवाश्याक बरें वातावरण दिवप हो उद्देश आसा जाल्यार ते जमनीचेर अतिक्रमण केल्ले लोक खूब काळा सावन रावतात ह्या सुद्दश्य प्रतिकथनाचेर हो उद्देश शेणटा काय किदें? नगरपालिका अधिनेमाच्यो तरतुदी वा शार आनी नगर नियोजन अधिनेमाच्यो तरतुदी, उकत्या सुवातांनी अशीं अतिक्रमणां नियमीत करूंक दिना. एकदा उकती सुवात म्हणून राखून दवरतकच त्याच उद्देशा खातीर ताचो वापर जावंक जाय. न्यायालयां मुखार वेग-वेगळ्या रुपांनी उकत्या सुवातांचो मुद्दो विचारांत घेवंक आयला, वाठाराच्या जमीन विकासा खातीर नियमनाच्या रुपान वा विंगड विंगड म्हामंडळां आनी नगरपालिका मंडळांच्या बिल्डींग पोट- पोट-नेमांच्या संदर्भांत ते आसात, जंय अश्यो उकत्यो सुवातो सांबाळून दवरूंक जाय. आदीं, 1991 वर्सा, **बेंगलोर मॅडिकल ट्रस्ट विरुद्ध बी. एस. मुड्डुप्पा आनी हेर** (1991) 4 एससीसी 54 हे केशींत, सर्वोच्च न्यायालयान, वाठाराच्या नियोजनबद्द विकासाचे गरजेचेर आनी उकत्या सुवातांच्या म्हत्वाचेर आनी/वा उकत्यो सुवातो राखून दवरपाच्या म्हत्वाचेर भर दिलो. उडिपी म्युनिसिपालिटी केशींतल्या न्यायनिवाड्या उपरांत कायद्याच्या विकासांत नवी शीम हुपतना, भौशीक गरजेच्या सुविधां खातीर आशिल्ली आनी राखून दवरिल्ली जमीन जरी हेर कसल्याय उद्देशा खातीर बदलपाचो विचार केल्यार, त्या वाठारांतल्या रहिवाशांचो ताचेर हक्क आसतलो अशें सर्वोच्च न्यायालयान अभिनिर्धारीत केलें. कायदो विचारांत घेतना, सर्वोच्च न्यायालयान संवसारभरांत घडपी घडामोडी आनी त्या वाठारांतल्या रहिवाश्याक मनरिजवण करपाची आनी बऱ्या वातावरणांत जगूंक मेळपाची गरज मतींत घेतली. न्यायनिवाड्याच्या 24 आनी 25 परिच्छेदांत, सर्वोच्च न्यायालयान सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अभिक्षण केलें:-

“मनरिजवण आनी मेकळे हवे खातीर पर्यावरणाचो, उकत्या सुवातांचो, भुरग्यां खातीर खेळां-मैदानाचो, रहिवाश्या खातीर पथमार्ग आनी हेर सुविधा वा गरजेच्या सुविधांचो सांबाळ करप, हें प्रकरण भौशीक हुस्क्याचें आसा आनी विकासाचे परियोजनेंत सांबाळप हें म्हत्वाचें आसा.................................................................. उद्यान आनी खेळां-मैदानां खातीरच्यो उकत्यो सुवातो, खाजगी व्यक्तींक हेर वापरा खातीर रुपांतरीत करूंक लिजार दिवन वा विकून, त्यो उकत्यो सुवातो राखून दवरप आनी सांबाळून दवरप हातूंतलें जनहीत वगडावंक शकनात.......................................................... अशी कृती केल्यार ती विधीमंडळीय हेतूच्या आड आनी संविधी आवश्यकतायांच्या परस्पर विरोधी आसतली. मुखार, व्यक्ती स्वातंत्र्य आनी प्रतिश्ठेच्या मुळाव्या मुल्यांतल्यान प्रेरणा घेतिल्ली कृती आनी दर्जेदार जीण जगपा विशींची कृती राज्याची आसूंक जाय, जाका लागून सगळ्या नागरिकांक खात्रेन हक्क दिवप शक्य जाता.

25. उद्यान आनी खेळां-मैदानां खातीर उकत्यो सुवातो राखून दवरप हें शारीकरणाच्या वायट परिणामां पसून वाठारांतल्या रहिवाश्याच्या संरक्षणा बाबतींत संविधीक अधिकाराचो योग्य वापर अशें सगळ्यांनीच मान्य केलां.”

**विरेंद्र गौर आनी हेर विरुद्ध हरियाणा राज्य आनी हेर** (1995) 2 एससीसी 577, केशींत, नगरपालिकांक दिल्ल्यो उकत्यो सुवातो ह्यो जीवसृश्ट, नितळसाण सांबाळूंक, मनरिजवण, खेळां-मैदान आनी मेकळी हवा घोळची म्हणून, वाठारांतल्या रहिवाश्याच्या खातीर भौशीक गरजेची सुविधा म्हणून आसता अशी नोंद सर्वोच्च न्यायालयान केली. बांदकाम करपाचो निर्देश दिल्ल्यो इमारती ह्यो भलायकी आनी पर्यावरणाचेर वायट परिणाम करता, तशेंच वाठारांतल्या रहिवाश्याचे नितळसाण आनी हेर गजालींचेर परिणाम करता. अशे परिस्थितींत, भौशीक उद्देशान जमीन

संपादीत केल्ली आसल्यार, नगरपालिकेन थळाव्या रहिवाशींच्या तशेंच हेर लोकांच्या स्वास्थ्याचें रक्षण आनी सांबाळ करूंक जमनीचो वापर करूंक जाय आनी हेर कसल्याच उद्देशा खातीर करूंक जायना. उद्यान आनी उकत्या सुवातां खातीर जागे राखून दवरूंक विधीविधान करपा फाटीं, निसर्गीक रूप आनी विशेशताय सांबाळून, जिणेची गुणवत्ता सुदारपाचो आनी प्रसार करपाचो वैधानीक हेतू आसा अशें सर्वोच्च न्यायालयान मुखार नोंद केलें. शारीकरणाच्या वायट परिणामांतल्यान वाठारांतल्या रहिवाशांच्या रक्षणा संदर्भांत, उद्यान आनी खेळां-मैदानां खातीर उकत्यो सुवातो राखून दवरप हें संविधीक अधिकाराचो योग्य वापर म्हणून संवसारांत सगळ्यांनी मानून घेतलां.

**एल. आर. वरवीं पं. छेट राम वशिश्ट (मरण आयिल्ले) विरुद्ध दिल्ली म्हानगरपालिका** (1995) 1 एससीसी 47, हे केशींत, उकती सुवात राखून दवरपाच्या निहिता खातीरची अट नगरपालिकेक दिवप हें कायदेशीर आसा काय किदें असो मुद्दो सर्वोच्च न्यायालया मुखार आसलो. आंखणी नियोजनांत खंयच्याय पथ, उकती सुवात, उद्यान, शाळा आनी हेरां खातीर खंयचोय जागो राखून दवरप हें सामान्यपणान भौशीक उद्देशा खातीर आसता, कारण सामान्यपणान ताचो वापर लोकां वरवीं जातलो हें अशे राखीवतेंत मुळांतूच आसा अशें अभिक्षण सर्वोच्च न्यायालयाचें आसा. अशे राखीवतेक लागून, तंट्यांत आशिल्ले जमनीचो कायदेशीर मालक जमनीचो मालक उरना आनी ती जमीन समाजाच्या वा सामान्यपणान लोकांच्या फायद्या खातीर दवरता. ते वरवीं, विश्वासाचें दायित्व तयार जावं येता आनी जमीन हस्तांतरीत करपा वा विकपा पसून मालकाक आडयता. उकती सुवात म्हणून जमीन निर्दिश्टीत केल्यार, म्हामंडळ हें जनहिताचें राखणदार आशिल्ल्यान, समाजाच्या हितान ते जमनीचें वेवस्थापन करपाचो हक्क तांकां मेळूंक शकता.

जमनीचो कायदेशीर ताबो पयल्या प्रतिवादीन घेवंक ना, वा जमनीचो मालकी हक्क पयल्या प्रतिवादीक दिवंक ना अशें जरी दुसर्या प्रतिवादीन आपल्या प्रतिज्ञापत्रांत म्हणलें, तरी विकसकाचेर (डॅव्हलपर) लागू केल्ले अटीच्या आदाराचेर, जी अट मान्य केल्ली, आनी जमीन उकती सुवात म्हणून दवरिल्ली, तशेंच पत्राच्या स्वरुपांत तरी ताबो दिल्ल्यान, ज्या उद्देशा खातीर जमीन दवरिल्ली

ती सांबाळून दवरूंक नगरपालिका जमनीची राखणदार जाली, हें ते खातीर स्पश्ट जाता. म्हणटकच, जमनीचो ताबो मेळूंक नाशिल्ल्यान आनी याचिका त्या आदाराचेर दाखल केल्ल्यान, प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 हांची ही याचिका दाखल योग्य ना असो युक्तीवाद आनी प्रतिवाद ह्या न्यायालया मुखार करूंक खूब उशीर जाला. **पं. छेट राम वशिश्ट** (वयर उल्लेखीत) केशींतलो निर्णय, प्रतिवाद्यां वतीन मांडिल्ल्या युक्तीवादाची जाप दिता. ताचे भायर, आपल्या अधिकारक्षेत्रांत बेकायदेशीर बांदकामां येनात हें पळोवपाचें संविधीक कर्तव्य कायद्यान प्रतिवादी क्र. 1 हाका दिलां.

11. **डॉ. जी. एन. खजुरिया आनी हेर विरुद्ध दिल्ली डॅव्हलपमॅण्ट ऑथोरिटी आनी हेर (दिल्ली विकास अधिकारिणी आनी हेर)**, (1995) 5 एससीसी 762 केशींतलो निर्णय लेगीत, एका उद्देशा खातीर राखून दवरिल्ली जमीन दुसरे गजाली खातीर दिवपा विशींच्या प्रकरणा संदर्भांत आशिल्लो. ते केशींत, एका पार्काचो भाग शाळा स्थापन करपाच्या उद्देशा खातीर दिवपाची मागणी केल्ली. पार्का खातीर राखून दवरिल्ली सुवात हेर खंयच्याय उद्देशा खातीर बदलून दिवंक शकनात अशें सर्वोच्च न्यायालयान अभिनिर्धारीत केलें. संविधीक अधिकार प्रामाणीकपणान, निश्ठेन आनी संविधीन भौशीक कार्याधिकाऱ्यांक हे अधिकार जे भावनेन दिल्यात ते पुराय करतले हे अपेक्षेन, विधीमंडळान कार्यपालिकेक अधिकार प्रदान करपा संदर्भांत उल्लेखीत न्याय-निवाड्याच्या परिच्छेद 10तलीं अभिक्षणां प्रसंगोचीत आसात. भौशीक कार्याधिकारी, म्हणल्यार आमच्या संविधानीक बांदावळीचो मुखेल फांटो आशिल्ली कार्यपालिका, हेर संविधानीक शाखां वरवीं आपलीं कर्तव्यां निभावपाक अपेशी थारल्या, अशें न्यायालयाक मोट्या प्रमाणांत दिसूंक लागलां. ही पोकळी आशिल्ल्यान, ही भुमिका निभावंक न्यायालया कडेन खूब प्रमाणांत प्रार्थना करतात, घडये न्यायालयान हें कर्तव्य निभावपाक जाय अशें संविधान रचप्यांनी लेगीत चिंतूंक नासतलें. अशी पोकळी आसूंक जायना म्हणून, संविधानीक मुल्यांचे राखणदार आनी कायद्याचो मान राखपी ह्या नात्यान, न्यायालय सध्या ही पोकळी भरून काडटा. आपलीं कर्तव्यां निभावपी सक्त कार्यपालिकाच संविधानीक मार्गदर्शक तत्वां अंमलांत हाडूंक मदत करूंक शकता. आमची लोकशायी बांदावळ

तशेंच संघीय संविधान सांबाळूंक, हें गरजेचें आसा. ह्या संदर्भांत न्यायनिवाड्याचो परिच्छेद 10चो पुनरुच्चार करप गरजेचें आसा:-

> “सोंपोवचे पयलीं, आमकां एक अभिक्षण करूंक जाय. न्यायालयाच्या आदेशाचे सक्तीक लागून अनधिकृत बांदकामां मोडटात पूण बेकायदेशीरपणाचेर पुरायपणान कारवाय जायना तशेंच अनधिकृत बांदकामां करूंक दिवपी वा बेकायदेशीर विभागणी करपी संविधीक संस्थेचे अधिकारी मुक्तपणान वावुरतात अशें दिसूंक लागला. दोन कारणांक लागून हें जावंक जायना आसलें. पयलें म्हणल्यार, संबंदीत नागरिकाचे बेकायदेशीर कृतीच्या मुळांत अधिकाऱ्याचो बेकायदेशीर कृती/आदेश आसा, ताका लागून बेकायदेशीर गजालीचो फायदो घेवप्यां परस त्या अधिकाऱ्याक चड दोश दिवंक जाय. ते खातीर, अनधिकृत बांदकामाची निकळावण करून गैरप्रकार पयस करपा सयत कायद्याक धरून अपराधी अधिकाऱ्याक लेगीत ख्यास्त जावंक जाय अशें आमकां दिसता. पूण, हें चुकून केन्नाय जाता. दुसरें म्हणल्यार, अन्यायाचेर कारवाय म्हणून आपल्या अधिकाराचो गैरवापर करपी अधिकाऱ्याक योग्य ख्यास्त दिवंक जाय. पूण अपराधी अधिकाऱ्याचेर कारवाय जायना आनी ते खातीर हेर अधिकारी तशेंच वागूंक भुलतात. हें वायट कृतीचे करणेक उत्तेजन दिता, पूण ताचो खरो उद्देश उरफाटो आसूंक जाय. "

लोकांच्या हक्कांचे राखणदार आशिल्ल्यान, खंयच्याय कायद्याचो आनी/वा पोट-नेमाचो भंग जाता आसत जाल्यार बांदकामांक मंजुरी न्हयकारून, आळाबंद हाडून आनी बिल्डिंगो मोडून पोट-कायदे अंमलांत हाडपाचो अधिकार कायद्यान म्हानगरपालिकेक दिला, अशें अभिक्षण, **सिंधू एज्युकेशन सोसायटी विरुद्ध म्युनिसिपल कॉर्पोरेशन ऑफ सिटी ऑफ उल्हासनगर आनी हेर**, 2001(1) एमएच. एल. जे.894, हे केशींत ह्या न्यायालयाच्या खंड न्यायपिठाचें आसा. जांच्या

फायद्या खातीर उकत्यो सुवातो राखून दवरिल्ल्यो ते न्यायालयांत वचूंक शकतात आनी संविधानाच्या 226 आनी/वा 227 अनुच्छेदा खाला आपलें असादारण अधिकारक्षेत्र वापरूंक शकतात, ह्या शेजाऱ्यां सयत व्यथीत व्यक्तीच्या हक्काचें पुनर्कथन हो न्यायनिवाडो करता.

12. ते खातीर, परवान्यांत लागू केल्ल्या अटीच्या आदाराचेर वा खंयचेय संविधीक तरतुदीक पाळो दिवन, जमनीच्या विकासांत बिल्डींग पोट-नेम वा उकत्यो सुवातो राखून दवरपाचे बाबतींत, त्यो उकत्यो सुवातो राखून दवरूंक जाय आनी हेर खंयच्याच उद्देशा खातीर बदलूंक शकना, फकत विधीमंडळान तशी परवानगी दिल्यार तें बदलूं येता, हें स्पश्ट जाता. प्रस्तूत केशींत, प्लॉट 'सी' उकती सुवात म्हणून राखून दवरपाची अट विकसकाचेर (डॅव्हलपर) लागू करपी आनी जी विकसकान मान्य केल्या, आनी खंयच्याय हेर उद्देशां खातीर वापरूं येता, हें दाखोवपी शार आनी नगर नियोजन अधिनेमा खाला मुखेलपणान येवपी अधिकारिणी म्हणल्यार नगर नियोजन समितीचो निर्देश आशिल्लो अशें अधिनेमीकरण ह्या न्यायालयाच्या मुखार हाडूंक ना. उकत्या सुवातांचो राखणदार म्हणून प्रतिवादी क्र. 1, जाचो ताबो प्रतिवादी क्र. 1चे कळोवणे प्रमाणें 20 मार्च 1978 दिसा दिल्लो, हो ताबो योग्य तरेन दिवं वा ना दिवं, तांणी जमीन उकती दवरूंक जाय आसली. प्रतिवादी क्र. 1 आपलें कार्य करूंक पुरायपणान अपेशी थारूंक ना. 1980 वर्सा, नगरपालिका अधिनेमाच्या 184 कलमा खाला कळोवणी जारी केल्ली अशें रिकॉर्ड दाखयता. पूण, अशें दिसता की हाचे उपरांत, ह्या न्यायालया कडेन उपलब्ध नाशिल्ल्या कारणांक लागून कारवाय जावंक ना, पूण राजकारण्यांचो हस्तक्षेप आशिल्ल्याचें प्रतिकथन याचिकादारांनी केलां. पूण, कागाळीचेर कारवाय म्हणून दुसऱ्या प्रतिवादीन कारवाय केली, पूण हाच्या भायल्या कारणांक लागून उल्लेखीत आदेश फाटीं घेवपाचें निवडलें.

दुसरो प्रतिवादी ही नगरपालिका अधिनेमा खाला येवपी अधिकारिणी आसा, जांणी सर्वसादारणपणान नगरपालिका अधिनेमाच्या 74(1)(a) कलमाच्या आदाराचेर दिल्ले अधिकार निभावपाक जाय, पूण हें नगराध्यक्षाच्या नियंत्रण, निर्देश आनी परिवेक्षणाचे अधीन आसतलें आनी मंडळाच्या अर्थीक आनी कार्यकारी प्रशासनाचें परिवेक्षण करूंक जाय आनी नगरपालिका

अधिनेमान वा अधिनेमा खाला ताका दिल्ले वा ताचेर लागू केल्ले, वा ताका वांटून दिल्ले अधिकार वापरूंक जाय आनी अशीं कर्तव्यां आनी कार्यां निभावपाक जाय. 184 कलमा खाला ,अनधिकृत बांदकामाचे बाबतींत फकत दुसऱ्या प्रतिवादीक एक विशेश अधिकार दिला. प्रस्तूत केशींत, भौशीक कागाळींचेर कारवाय म्हणून आनी कळोवण्यांचेर आयकून घेतल्या उपरांत, उकत्या सुवातांतलीं बेकायदेशीर बांदकामां काडपाचो निर्देश दिवन दुसऱ्या प्रतिवादीन कायद्याक धरून कार्य केलें. उकत्यो सुवातो एकदां उकत्यो सुवातो म्हणून राखून दवरतकच, फकत संविधीक तरतुदी खाला सोडून, त्यो बदलूंक शकनात, फेरफार करूंक शकनात वा हेर खंयचेच गजाली खातीर वापरूंक शकनात. एकदां उकत्यो सुवातो दवरल्यो काय उल्लेखीत सुवातो सांबाळपाचें अतिरिक्त कार्य राखणदार म्हणून प्रतिवादी क्र. 1 हांचें आसलें. हें कर्तव्य निभावपाक अपेशी थारल्यार जमनीचो विश्वस्त म्हणून दिल्ल्या विश्वासाचो भंग करप थारतले. आपल्या अधिकारक्षेत्रांत योग्य तरेन उदरगत जाता हें पळोवंक प्रतिवादी क्र. 1 हें कायदेशीरपणान स्थापन केल्लें मंडळ आसा.

13. आतां आमी निमाण्या मुद्द्या कडेन येतात, तो म्हणल्यार, आदेश न्यायीक-शे अधिकारिणीन दिवंक ना अशें मानून घेवन, प्रतिवादी क्र. 1 हे, 6 ऑगस्ट 2001 दिसा काडिल्ल्या आपल्या फुडल्या आदेशा वरवीं तातूंत दिल्ल्या कारणां खातीर आदेश फाटीं घेवंक वा नियाळ घेवंक शकताले काय किदें. आदीं लक्षांत आयिल्ल्या प्रमाणें, प्रतिवादी क्र. 2 हाका नगरपालिका अधिनेमा खाला संविधीक अधिकार प्रदान केल्यात. ताची वैयक्तीक मर्यादा आसूं वा उदार विचार आसूं, नगरपालिका अधिनेमा खाला आपलें कर्तव्य निभायतना ते येवंक जायना आसले. पुनर्वसणूक वा पर्यायी जाग्याचीं प्रकरणां नगरपालिका अधिनेमा खाला ताका प्रदान करूंक नात. तें दुसऱ्याच्या अधिकारक्षेत्रांत पडटा आनी असो अधिकार प्रदान केल्ले अधिकारिणीन ताचेर विचार करूंक जाय. प्रतिवादी क्र. 2, एकल्या कडल्यान घेवन दुसऱ्याक दिवपी रॉबिन हुडा वरी वावरूंक शकना. प्रस्तूत केशींत, आमकां सुरवातेक दिसलें की, बांदकामांच्या समर्थनांत कसलेच कागदी पुरावे नाशिल्ल्यान हीं बांदकामां बेकायदेशीर आशिल्ल्याचें, निमाणी कळोवणी जारी करतना प्रतिवादी क्र. 2 हांणी नमूद केलें. दुसरें म्हणल्यार, जमनीचो मालकी हक्क दाखोवंक प्रतिवादी अपेशी थारल्यात हें नमूद

जालां. ते उपरांत, निमाणी कळोवणी जारी करचे पयलीं नगरपालिका प्रशासनाच्या संचालकाक बरयल्ल्या आपल्या अहवालांत, ताणें निमाणी कळोवणी जारी करतकच 14 दीस पुराय जाल्या उपरांत बांदकाम मोडूंक तो संविधीक नदरेन बांदील थारता हाची दुसऱ्या प्रतिवादीक पुरायपणान जाणीव आसली. बांदकाम बेकायदेशीर आशिल्लें हाचेर तो पुरायपणान समाधानी आशिल्लो हें 4 जून 2001 दिसा केल्ल्या निवेदनांतल्यान स्पश्ट जाता. पूण ताचे उरफाटे वचून, 6 ऑगस्ट 2001 दिसाच्या आदेशांत, प्रतिवादी क्र. 2 हांणी बचाव उपाय घेतल्यात, जे आमच्या मतान बचावा योग्य नात. सर्वोच्च न्यायालयान अधीकथीत केल्लो कायदो फकत न्यायालयांक बंधनकारक थारना, तो सगळ्या भौशीक अधिकारिणींक बंधनकारक थारता, तातूंत पयल्या आनी दुसऱ्या प्रतिवाद्यांचो आसपाव जाता. एकदा उकती सुवात, उकती सुवात म्हणून कडेक दवरली म्हणटकच, उकते सुवातेर कसलेंय अतिक्रमण वा हस्तक्षेप जाल्यार, शेजाऱ्यांक वा पिडीत लोकांक याचिका दाखल करपाचो हक्क आसा. तें खूब वर्सां पयलीं निश्चीत जालां. म्हणटकच, सर्गेस्त ब्रुनो फर्नांडीस हांणी कागाळ दाखल करूंक ना आनी हेर व्यक्तींनी कागाळ दाखल केल्या ही वस्तुस्थिती म्हत्वाची ना. विकसीत जमनींत प्लॉट आशिल्ल्यांनी कागाळी नोंद केल्यात. हाचे भायर, दुसऱ्या प्रतिवादीन अशा तिसऱ्या पक्षा कडल्यान कागाळी स्विकारिल्ल्यो आनी मोडपाची निमाणी कळोवणी जारी केल्ली.

फुडलो आदार म्हणल्यार, हे लोक थंय जल्मल्यात. अशें जालां आसतलें म्हणून ह्या खिणाक गृहीत धरल्यार, न्यायालयाक हे गजालीची सहानुभुती आसा पूण हाचो अर्थ असो न्हय की कायदो सम्मत शासनाचेर आडनदर करप. जरी खाजगी वा भौशीक मालमत्तेचेर अतिक्रमण करपी दरेका अतिक्रमण करप्याचो पुनर्वसणुकेचेर हक्क आसा जाल्यार, ताचो परिणाम म्हणून सरकारी तिजोरेचेर आनी कायद्याक धरून कर फारीक करपी आनी आपलीं कर्तव्यां निभावपी प्रामाणीक नागरिकांचेर भार पडटलो. आमच्या मतान हें संविधानीक बांदावळीक धरून ना वा ह्या कारणाक लागून नगरपालिका अधिनेम वा शार आनी नगर नियोजन अधिनेम रचूंक नात. नगरपालिका अधिनेमाच्या 184 कलमा खाला राशन कार्ड वा मतदार वळेरेंतलीं नांवां हो मुद्दो विचारांत घेतकच, ह्या संदर्भांतल्या हेर आदारांचो हांगा संबंद ना. ते खातीर, दुसऱ्या प्रतिवादीन अधिकाराचो वापर करपा

संबंदान, निमाणे कळोवणेचो आदेश आडावन धरूंक वयर उल्लेख केल्ले वेग-वेगळे आदार, पुरायपणान तिगून उरपी नात वा जोडिल्ले नात. नगरपालिका अधिनेमाच्या 184 कलमाचे सक्त मर्यादेंत रावन ह्या प्रकरणाचें परिक्षण करपाचें कर्तव्य दुसऱ्या प्रतिवादीचें आसलें पूण हे मर्यादे भायर तो किद्या खातीर गेलो हें मतींत घेवप अशक्य आसा. हांगा नोंद केल्ल्या कारणां भायल्या कारणांक लागून हें जालां आसुंये. न्यायालयाक हें काम करचें पडटा हें दुर्दैवी. दुसऱ्या प्रतिवादीन दबावा खाला कृती केल्या, पूण जरी तो स्वतंत्रपणान आपलीं कर्तव्यां निभावपाक शकना जाल्यार आपल्या पदाचेर काम करचे बदला ताणें पद सोडूंक जाय.

14. गोवा, दमण आनी दिव मुंडकार अधिनेमाच्या तरतुदीं खाला अर्ज दाखल केला अशें प्रतिकथन प्रतिवाद्यांनी केलां खरें. पयली म्हणल्यार, 20 जुलय 2001 तारखेचे पयले कळोवणे उपरांत हे अर्ज दाखल जाल्ले अशें नोंदीक लागून दिसता. याचिकादाराचे वतीन विद्वान वकिलान 1 ऑक्टोबर 2001 तारखेचो पत्रवेव्हार सादर केला, जातूंत पयल्या याचिकादाराच्या अध्यक्षान कळीत केलां की मुंडकार अधिनेमा खाला दाखल केल्ले अर्ज भायर मारल्यात. ह्या प्रकरणाच्या त्या पैलूंत आमकां वचपाचें ना. म्हणटकच आयचे तारखे मेरेन एकूय अर्ज प्रलंबीत ना अशें म्हणूं येता.

15. वयल्या मुद्द्यांक धरून, सकयल दिल्ल्या निश्कर्शाचेर पावतात:-

(i) विकास परियोजनेचो भाग म्हणून वा इमारत परवान्याक पाळो दितना सांबाळूंक जाय आशिल्ल्यो उकत्यो सुवातो, संबंदीत अधिनेम, नेम आनी पोट-नेम वा हेर कार्यपालिका निर्देशांक धरून, विकास वा बांदकामा खातीर अट म्हणून विकास मंजुरी वा इमारत परवान्या प्रमाणें, त्यो उकत्यो दवरूंक जाय;

(ii) निश्कर्श (i) हातूंत संदर्भीत ह्यो उकत्यो सुवातो, मुळांत ज्या लाभार्थी वा पक्षकारांच्या फायद्या खातीर सांबाळिल्ल्यो तांकां आयकून घेनासतना त्यो परिवर्तीत, रुपांतरीत वा बदलूंक मेळना आनी लागू आशिल्ल्या कायद्याक धरून पोट-नेमा सयत खंयच्याय अधिनेमीकरण, नेम, नियमन वा हेर अधिनेमीकरणा खाला तरतूद आसल्यारूच हें शक्य आसा;

(iii) विकास मंजुरी वा इमारत परवानो दितना उकत्यो सुवातो लाभार्थ्यांच्या फायद्या खातीर दवरिल्ल्यान, जिवन जगपाच्या अधिकाराक धरून, निश्कर्श (i) हातूंत संदर्भीत अश्या उकत्या सुवातांनी जांणी बांदकामां बांदल्यांत वा ताचो वापर बदल्ला, तीं कायदेशीर आसूं वा बेकायदेशीर आसूं, तांचीं हीं बांदकामां खूब काळा सावन आसात ह्या आदाराचेर तांच्या फावरान न्यायोचीत म्हणून विचारांत घेवंक शकना. हो विचार हेर सगळ्या विचारां परस चड म्हत्वाचो आसा.

(iv) विकास मंजुरी/परवानो दिवपी, आनी खंयच्याय अधिनेमीकरण, नेम, नियमन, पोट-नेम आनी हेरां वरवीं अधिकार प्रदान केल्ल्या अधिकारिणींनी, आनी बेकायदेशीर बांदकामां वा वापरांत बदल केल्ल्या विशीं कागाळी येवन लेगीत कायद्याक धरून कारवाय करपाचें आपलें कर्तव्य निभावपाक अपेशी थारपी अधिकारिणींनी, सर्वोच्च न्यायालयान घोशीत केल्ल्या कायद्याक धरून, ह्या प्रकरणांत बेगिनात बेगीन कारवाय करूंक जाय, ना जाल्यार तांचेर शिस्तभंग कारवाये सयत हेर कारवाय जावं येता;

(v) सगळ्या थळाव्या मंडळां आनी नियोजन अधिकारिणी सयत, अशीं कर्तव्यां दिल्ल्या सगळ्या अधिकाऱ्यां खातीर सुचोवण्यो आनी / वा मार्गदर्शक तत्वां जारी करून ह्या प्रकरणांत पावलां उबारूंक, ह्या न्यायनिवाड्याची आनी आदेशाची एक प्रत गोंय राज्याच्या मुख्य सचिवाक धाडची. जाका लागून निर्धारीत वेळा भितर त्या कागाळींचेर कारवाय करूंक शकतले आनी ते अपेशी थारल्यार तांचेर शिस्तभंग कारवाय जावं येता;

(vi) मुख्य सचिवान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांची / सुचोवण्यांची एक प्रत आयज सावन स म्हयन्यां भितर ह्या न्यायालया मुखार दवरूंक जाय; आनी

(vii) मुख्य सचीव ह्या न्यायनिवाड्याची प्रत, निश्कर्श (v) हातूंत संदर्भीत सगळ्या मंडळांक धाडटले आनी स म्हयन्यां भितर तांचो अनुपालन अहवाल मागतले आनी उपरांत तांणी पदनियुक्त केल्ल्या खंयच्याय अधिकाऱ्या वरवीं स्थिती अहवाल दाखल करतले.

16. सोंपोवचे पयलीं, दुसऱ्या प्रतिवादीन जे रितीन हें प्रकरण हाताळ्ळां ताचेर आमी पुराय नाखुशी उकतायतात हाची नोंद करूंक जाय. पूण, आदीं मोडपाच्यो कळोवण्यो जारी केल्ल्यो ही

वस्तुस्थिती मतींत घेवन आनी दुसरो प्रतिवादी रोखडोच निवृत्त जावपाचो आसा हें दुसऱ्या प्रतिवादीचे वतीन विद्वान वकिलान दाखोवन दिला, त्या प्रमाणें, कसली तरी कारवाय करची म्हणून निर्देश दिवपा वटेन आमी आसले, तरी आसतना, ही सगळी वस्तुस्थिती विचारांत घेवन, प्रतिवादी क्र. 2 हाच्या आड कारवायेचो निर्देश दिवंक आमी अनमनतात आनी न्हयकार दितात. पूण, **डॉ. जी. एन. खजुरिया आनी हेर** (वयर उल्लेखीत) हे केशींत, सर्वोच्च न्यायालयाचो न्यायनिवाडो लागू उरतलो हें स्पश्ट करतात. आपलीं कर्तव्यां निभावपाक न्हयकार दिवपी आनी/वा कळीत करून लेगीत बेकायदेशीर बांदकामां वाडपाक मान्यताय दिवपी अधिकाऱ्यां आड शिस्तभंग कारवाये सयत हेर कारवाय जातली.

17. वयर सांगिल्ल्या प्रमाणें, खंड (a), (b) आनी (c) प्रार्थनेचे बाबतींत न्यादेश पुराय करतात. अतिक्रमण काडल्या उपरांत प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 हांची सुवात विकसीत करपाची स्थिती नासल्यार, प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 हांणी याचिकादारांक उकते सुवातेर गार्डन / भुरग्यां खातीर उद्यान (चिल्ड्रन्स पार्क) विकसीत करूंक अधिकृत करूंक जाय.

खर्च प्रतिवादी क्र. 1 आनी 2 हांणी फारीक करप.

एफ. आय. रिबेलो, न्या.

ए. एस. आगियार, न्या.

***अस्विकरण***

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो*

*न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**